# AKASHWANI PANAJI REG NEWS 7.25 AM 26TH MAY 2026

## उपराष्ट्रपती गोंय

गोंय घटक राज्य दीसाच्या सुवाळ्यानिमतान उपराष्ट्रपती डॉ. सी. पी. राधाकृष्णन गोंयांक भेट दितलें. कला अकादमीत जावपी घटक राज्य दीसाच्या सुवाळ्याक उपराष्ट्रपती मुखेल सोयरे म्हूण हाजीर आसतलें.उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन हे 29 मे गोंयांत पावतलें. शनवारा 30 मे सकाळी 10 वराचेर कला अकादमीत घटक राज्य दीसाची मुखेल कार्यावळ जातली. राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू, मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत तशेच हेर मानेस्त कार्यावळीक हाजीर आसतलें. ही कार्यावळ जाले उपरान दनपारा 12.30 वराचेर उपराष्ट्रपती एनआयओक भेट दितले.

## प्रेरणा दिस

गोयांतल्या एसटी समाजाच्यो मुखेल मागण्यो भाजप सरकार सत्तेर आसतनाच मान्य जाल्यात. आता ह्या समाजाक राज्यात राजकीय आरक्षणय भाजप सरकारच दितले अशें उतर मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हाणी आज दिले. २०२७ वर्सा जावपी विधानसभा वेचणूके आदी हे आरक्षण मेळतले अशें ताणी सांगले.गोय राज्याचे आदिवासी कल्याण खाते आणि उटा या संघटनेन आंबावली केपे हांगा घडवन हाडिल्ल्या प्रेरणा दिस कार्यावळीत ते उलयताले. एसटी समाजाच्यो हेर मागण्योय सरकार मान्य करतले अशें आश्वासन तानी दिले.२५ मे २०११ ह्या दिसा जाल्ल्या आंदोलनात मंगेश गावकर आणि दिलीप वेळीप ह्या दोन तरनाट्यांक मरण आयिल्ले. त्या दिसाचो उगडास म्हणून दरवर्सा हो दिस प्रेरणा दिस म्हणून पाळतात.

ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यांचे हस्तुकी आदिवासी कल्याण खात्यान तयार केल्लो व्हिजन डॉक्युमेंट सयत धरती आबा सुविधा केंद्र, राना अधिकार ॲटलास, सुधारित अटल आवास

योजना, आदिवासी पाककला पुस्तक आदींचे उक्तावण केले.ह्यावेळार रान अधिकार कायद्याखाला लोकांक जमिनीच्यो सनदी वाटल्यो..

GANESH

वेंंचणूक जावपी इकरा नगरपालिकांंच्या प्रभागांंचो आकडो निश्चीत करपी अधिसूचोवणी राज्य वेंंचणूक आयोगान जारी केल्या. हे प्रभाग 2011च्या जनगणने नुसार निश्चीत केल्ल्या लोकसंंख्येच्या आदाराचेर केल्या. 2021च्या वेंंचणुकेच्या तुळेत मडगाव, मुरगाव आनी कुडचडे - काकोडा नगरपालिकेत दरेकी 2 प्रभाग वाडल्या. वाळपय, पेडणे, सांंगे आनी म्हापसा नगरपालिकेचो एकूय प्रभाग वाडोक ना. काणकोण, केपे, कुंंकळ्ळी आनी दिवचल नगरपालिकेचो दरेकी 1 प्रभाग वाडला.इतले मजगती प्रभाग फेररचणुकेची प्रक्रीया लेगीत राज्य वेंंचणूक आयोगान सुरू केल्या. प्रभाग फेररचणुके खातीर अधिकाऱ्यांंची नेमणूक केल्या.मुरगाव, मडगाव, म्हापसा, कुडचडे - काकोडा, दिवचल, कुंंकळ्ळी, केपे, काणकोण, वाळपय, पेडणे आनी सांंगें ह्या 11 नगरपालिकांंचो कार्यकाळ एप्रील आनी मे म्हयन्यात सोपला. कार्यकाळ सोपिल्ल्या पालिकांंचेर सरकारान प्रशासकाची नेमणूक केल्या. प्रभाग फेररचणूक प्रक्रीया योग्य तरेन जावपा खातीर सरकारान सगळ्या 11 नगरपालिकांंच्यो वेंंचणुको फुडें धुकल्ल्या. प्रभाग फेररचणूक मसूदो जावन सूचोवणे सादर करपा खातीर 30 दिसांंची मुजत दिवपाची तजवीज केल्या. हाचे खातीर सरकारान नगरपालिका कायदो दुरूस्ती अध्यादेश जारी केलो.

उदका तपासणी

दोनापावलाच्या राष्ट्रीय दर्या विज्ञान संस्थेवतीन न्हंयांच्या उदकाचो अभ्यास करपात येतलो. 28 मे दिसा मांडवी न्हंयत नुस्तेमारी जेटी पणजी, 29 मे दिसा तेरेखोल न्हंयत केरी हांगा आरोंदा पुलासकयल्या वटेनच्या वाठारांत, 30 मे दिसा जुवारी न्हंयत बोरी पुलाच्या सकयले वटेनच्या न्हंय वाठारांत आनी शापोरा न्हंयत कोलवाळ-धारगळ पुलाच्या वयले वटेनच्या वाठारांत न्हंयच्या उदकाचो अभ्यास जातले.ते खातीर वयल्या

न्हंयांतल्यान येरादारी करपी सगळ्यों बार्जीं, प्रवासी लाँची, क्रुईज बोटी, उदकाखेळ बोटी, पनेळ, फेरीबोटीं, नुस्तेमारी बोटीं, आनी हेर यांत्रिकीं आनी बिनयांत्रिकीं नाविकांनी वयल्या दिसांनी जतनय घेवन सवकायेन येरादारी करची. तशेंच गस्त बोटीकडल्यान मेळपी सुचोवण्यांक पाळो दिवचो, अशें कॅप्टन ऑफ पोर्टस् खात्यान कळीत केला.

PIB

भौशीक क्षेत्रांतल्या तेल विपणन कंपनींनी - इंडियन ऑयल कॉर्पोरेशन, भारत पेट्रोलियम कॉर्पोरेशन लिमिटेड आनी हिंदुस्तान पेट्रोलियम कॉर्पोरेशन लिमिटेड हांणी वेगवेगळ्या राज्यांनी इंधनाची वाडट्या प्रमाणांत मागणी पळोवन देशभरांत पेट्रोल, डिझेल आनी एलपीजीची सुगम आनी अखंड उपलब्धताय दिवपाचे आश्वासन  गिरायकांक दिला .भौशीक क्षेत्रांतलीं तेल कंपनीं अखंडीत इंधन पुरवण आनी कार्यक्षम वितरण जाळें सांबाळपा खातीर आपल्यो  कार्यावळी आनी वितरण वेवस्थापन चालू दवरतात.फाटल्या दिसांनी पेट्रोलियम उत्पादनांची मागणी बरीच वाडल्या. गोंयांत 1 मे ते 24 मे 2026 ह्या काळांत पेट्रोलाचे किरकोळ विक्रींत फाटल्या वर्साच्या त्याच काळांत 7.62 टक्क्यांनी वाड जाल्या, जाल्यार डिझेलाची किरकोळ विक्री 10.07 टक्क्यांनी वाडल्या.

Announcement

आकाशवाणी पणजी ‘कॅज्युअल असाइनीज’, न्यूज रीडर-कम- ट्रान्सलेटर ह्या वर्गवारीत तात्पुरत्या कराराचेर पात्र उमेदवारां कडल्यान अर्ज मागयता. अर्ज करपाक निमणी तारीख 1 जून अशी आसा.

हवामान

भारतीय हवामान खात्याच्या पणजी वेधशाळेन नोंद केल्ल्या प्रमाण  काल आणि फाल्या □शे दोन दिस  उत्तर आनी दक्षिण गोंय जिल्ह्यांनी एकसुरे सुवातींनी सांजवेळा वा रातच्या वेळार जोगला आनी गडगडा सयत तासाक ३० ते ४० किलोमीटर वेगान वादळी वारे मारपाची शिटकावणी दिल्या

SUSHANT

फातोरडाच्या पंडित जवाहरलाल नेहरू स्टेडियमाचेर जाल्ले SAFF वस्तादपण सर्तीत भारतीय बायलांच्या फुटबॉल पंगडान मालदीवाचेर 11-0 अशे जैत मेळयलें.